गोंय लोक सेवा आयोग

ईडीसी हावस, ब्लॉक 'सी',1लो मजलो, दादा वैद्य रोड, पणजी, गोंय – 403001.

संकेतथळः http://gpsc.goa.gov.in

**जायरात क्रमांक . 03 वर्स 2023**

सकयल दिल्ल्या पदां खातीर ऑनलायन अर्ज मागयतात. अर्ज भरपाची निमाणी तारीख 24-03-2023 आसा. ऑनलायन अर्ज भरचे पयलीं, उमेदवारांनी आयोगाच्या संकेतथळार उपलब्ध आशिल्ल्यो सुचोवण्यो जतनायेन वाचच्यो.

2. वेवसायीक महाविद्यालयां, भलायकी सेवा संचालनालयांत सल्लागार आनी वरिश्ठ तंत्रिकी विज्ञानीक पदां खातीर, कोंकणीचें गिन्यान आशिल्ले योग्य उमेदवार उपलब्ध नासल्यार, हेर तरेन योग्य आशिल्ल्या उमेदवारांची शिफारस गोंय लोक सेवा आयोग करूंक शकता आनी ही अट सदळ करप गरजेचें वा ताकतिकेचें अशें सरकाराचें मत आसल्यार, गोंय लोक सेवा आयोगाचे शिफारसीचेर सरकार ही अट सदळ करूंक शकता.

3. विहीत शिक्षणीक पात्रताय ही फकत किमान पात्रताय आसा आनी फकत ही पात्रताय आसली म्हूण उमेदवार मुलाखतीक आपोवपाक पात्र आसतलेच अशें ना. अर्जांची संख्या चड आसल्यार, **"सुचोवण्यांत"** नमूद केल्ल्या प्रमाणें आयोग मुलाखतीक आपोवंक उमेदवारांची लघू वळेरी तयार करतले.

**I. विज्ञान आनी तंत्रज्ञान आनी कोयर वेवस्थापन खातें**

**1. विज्ञानीक अधिकारी ……. 1 पद (अनआरक्षीत)**

**वेतन श्रेणी:** रू. 15,600- 39,100 +5,400/- (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 10 प्रमाणें)

**पिराय -** 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक:**(1) (i) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान /शिक्षणीक संस्थे कडल्यान रसायनशास्त्र/ भौतीकशास्त्र/ जीवशास्त्र वा तत्सम ह्या विशयांत विज्ञान पदवी.(ii) संबंदीत क्षेत्रांत पांच वर्सांचो अणभव.

वा

(1)(i) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान / शिक्षणीक संस्थे कडल्यान रसायनशास्त्र/ भौतीकशास्त्र / जीवशास्त्र वा तत्सम विशयांत विज्ञानांत मास्टर्स पदवी.(ii) संबंदीत क्षेत्रांत तीन वर्सांचो अणभव.

(2) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

ऐच्छिक:-(i)कोयर वेवस्थापनाचो अणभव (ii)भुगोलीक माहिती प्रणाली (जीआयएस)/रिमोट सॅन्सिंगाचें गिन्यान (iii) मराठीचें गिन्यान.

**2. तंत्रीक अधिकारी ............ 2 पदां (अनआरक्षीत)**

वेतन श्रेणी: रू. 15,600- 39,100 +5,400/- (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 10 प्रमाणें) पिराय - 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-

आवश्यक:(1) (i) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान/शिक्षणीक संस्थे कडल्यान माहिती तंत्रज्ञान/इलॅक्ट्रॉनीक/इलॅक्ट्रीकल/दूरसंचार हातूंत अभियांत्रिकीची पदवी वा तत्सम.(ii) संबंदीत क्षेत्रांत पांच वर्सांचो अणभव.

वा

(1) (i) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान/शिक्षणीक संस्थे कडल्यान माहिती तंत्रज्ञान/इलॅक्ट्रॉनीक/इलॅक्ट्रीकल/दूरसंचार हातूंत अभियांत्रिकीची मास्टर्स पदवी वा तत्सम.(ii) संबंदीत क्षेत्रांत तीन वर्सांचो अणभव.

(2) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

ऐच्छिक:-(i) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान/शिक्षणीक संस्थे कडल्यान संबंदीत विशयांत विज्ञानांत डॉक्टरेट (ii)कोयर वेवस्थापनाचो अणभव (iii) भुगोलीक माहिती प्रणाली (जीआयएॅस)/रिमोट सॅन्सिंगाचें गिन्यान. (iv) मराठीचें गिन्यान.

## II. भौशीक भलायकी खातें

### अ .गोंय वैजकी महाविद्यालय

1. सहाय्यक प्राध्यापक (Assistant Professor in )

(i) मॅडीकल गॅस्ट्रोएण्टेरोलॉजी ( Medical Gastroenterology) …… 1 पद (अर्थीक नदरेन दुबळे आशिल्ल्यांक आरक्षीत) (ईडब्ल्यूएॅस) (4 थे फावटी)

(ii) इंडोक्रिनॉलॉजी (Endocrinology) …… 1 पद (हेर मागास वर्गीयां खातीर आरक्षीत) (6 वे फावटी)

(iii) कार्डीएक ऍनेस्थेसियोलॉजी (Cardiac Anaesthesiology) ……. 3 पदां (1- अनआरक्षीत, 1- अनुसुचीत जमाती, 1- अर्थीक नदरेन दुबळे आशिल्ल्यांक) (4 थे फावटी)

वेतन श्रेणी: रू. 15,600- 39,100 + 6,600/- (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 11 प्रमाणें)

पिराय - 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-

आवश्यक: (i) भारतीय वैजकी मंडळ कायदो, 1956 (1956 चो कायदो क्र. 102) चे पयले वा दुसरे वळेरींत वा तिसरे वळेरीच्या भाग II (सनद पात्रताय सोडून) हातूंत आसपावीत केल्ल्या प्रमाणें मान्यताय प्राप्त वैजकी पात्रताय. तिसऱ्या परिशिश्टाच्या भाग II प्रमाणें शिक्षणीक पात्रताय आशिल्ल्यांनी भारतीय वैजकी मंडळ कायदो, 1956 (1956 चो कायदो क्र. 102) च्या कलम 13 पोट-कलम (3) त दिल्ल्यो अटी पुराय करूंक जाय. (ii) राष्ट्रीय वैजकी आयोग (आदलें भारताचें

वैजकी मंडळ) मान्यताय प्राप्त वैजकी महाविद्यालय / संस्थे कडल्यान संबंदीत खासा विशेशतायेंत वा तत्सम हातूंतल्यान पदव्युत्तर पदवी. (iii) मान्यताय प्राप्त वैजकी महाविद्यालय/ वैजकी पदवी

(डी.एम)/मास्टर ऑफ चिरूरजिया (एम.सीएच) ची पात्रताय पदवी मेळयल्या उपरांत वैजकी महाविद्यालय/ शिक्षणीक संस्थेंत खासा- विशेशतायेच्या विशयांत उण्यांत उणो एक वर्स शिकोवपाचो/ संशोधनाचो अणभव आसूंक जाय.

**टीपः तीन वर्सां कालावधीची वैजकीय पदवी (डी.एम.) / मास्टर ऑफ चिरूर्जिया (एम.सीएच.) च्या उमेदवारांक अणभवाची गरज ना.**

(iv) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

ऐच्छिक:– मराठीचें गिन्यान.

**2. वैजकी शास्त्रांत व्याख्यातो (Lecturer in Medicine) .... 1 पद ( अनुसुचीत जमाती खातीर आरक्षीत) (10 वे फावटी)**

**वेतन श्रेणी:** रू.15,600-39,100+ 6,600/- (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 11 प्रमाणें) **पिराय-** 45 वर्सां परस उणी.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय :-**

**आवश्यक:** (i) भारतीय वैजकी मंडळ कायदो, 1956 चे पयले वा दुसरे वळेरींत वा तिसरे वळेरीच्या भाग II (सनद पात्रताय सोडून) हातूंत आसपावीत केल्ल्या प्रमाणें मान्यताय प्राप्त वैजकी पात्रताय. तिसऱ्या परिशिश्टाच्या भाग II प्रमाणें शिक्षणीक पात्रताय आशिल्ल्यांनी भारतीय वैजकी मंडळ कायदो, 1956 च्या कलम 13 पोट-कलम (3) त दिल्ल्यो अटी पुराय करूंक जाय. (ii) संबंदीत खासा विशेशतायेंत वा तत्सम हातूंतल्यान पदव्युत्तर पदवी. (iii) आवश्यक पदव्युत्तर पदवीची मान्यताय प्राप्त जाल्या उपरांत वैजकी महाविद्यालय /शिक्षणीक संस्थेंत वरिश्ठ निवासी /निबंधक/अनुशिक्षक (Tutor)/ निदर्शक (Demonstrator) म्हूण संबंदीत विशेशतायेंत उण्यांत उणो 3 वर्सां शिकयल्ल्याचो अणभव आसूंक जाय.

(iv) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

ऐच्छिक:- मराठीचें गिन्यान.

**3.संबंदीत भलायकी विज्ञान शिक्षण क्रमांत ऑक्युपेशनल थॅरपींत(Occupational Therapy) सहयोगी प्राध्यापक .... 1 पद ( अनआरक्षीत)**

**वेतन श्रेणी:** रू. 15,600- 39,100 + 6,600/- (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 11 प्रमाणें) **पिराय -** 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक:** (i)मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान ऑक्युपेशनल थॅरपींत पदव्युत्तर पदवी (ऑक्युपेशनल थॅरपींत विज्ञान पदव्युत्तर पदवी / मास्टर ऑफ ऑक्युपेशनल थॅरपी / ऑक्युपेशनल

थॅरपींत मास्टर (ii) सहाय्यक प्राध्यापक/व्याख्यातो म्हूण संबंदीत विशेशतायेंत पांच वर्सां शिकोवपाचो अणभव. (iii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक:-** (i)विद्यापीठ अनुदान आयोगान मान्यताय दिल्ल्या विद्यापिठांतल्यान ऑक्युपेशनल थॅरपींत डॉक्टर ऑफ फिलॉसॉफी (पीएचडी) पदवी. (ii) उच्च दर्जाचें स्वतंत्र प्रकाशन (iii)मराठीचें गिन्यान.

**4. संबंदीत भलायकी विज्ञान शिक्षण क्रमांत ऑक्युपेशनल थॅरपींत (Occupational Theraphy) सहाय्यक प्राध्यापक .... 1 पद ( अनआरक्षीत)**

**वेतन श्रेणी:** रू. 15,600- 39,100 + 6,600/- (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 11 प्रमाणें) **पिराय -** 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक:** (i)मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान ऑक्युपेशनल थॅरपींत पदव्युत्तर पदवी (ऑक्युपेशनल थॅरपींत विज्ञान पदव्युत्तर पदवी / मास्टर ऑफ ऑक्युपेशनल थॅरपी / ऑक्युपेशनल थॅरपींत मास्टर (ii) संबंदीत विशेशतायेंत तीन वर्सां शिकोवपाचो अणभव. (iii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक :-** मराठीचें गिन्यान.

5. जेरियेट्रिक्स वैजकी शास्त्रांत सहाय्यक प्राध्यापक (Assistant Professor in Geriatrics Mediine) ...... 1 पद (अन- आरक्षीत) (2 रे फावटी)

**वेतन श्रेणी:** रू. 15,600- 39,100 + 6,600/- (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 11 प्रमाणें) **पिराय -** 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक:** (i) भारतीय वैजकी मंडळ कायदो, 1956 (1956 चो कायदो क्र. 102) चे पयले वा दुसरे वळेरींत वा तिसरे वळेरीच्या भाग II (सनद पात्रताय सोडून) हातूंत आसपावीत केल्ल्या प्रमाणें मान्यताय प्राप्त वैजकी पात्रताय. तिसऱ्या परिशिश्टाच्या भाग II प्रमाणें शिक्षणीक पात्रताय आशिल्ल्यांनी भारतीय वैजकी मंडळ कायदो, 1956 (1956 चो कायदो क्र. 102) च्या कलम 13 पोट-कलम (3) त दिल्ल्यो अटी पुराय करूंक जाय. (ii) राष्ट्रीय वैजकी आयोग (आदलें भारतीय वैजकी मंडळ) मान्यताय प्राप्त वैजकी महाविद्यालय / संस्थे कडल्यान संबंदीत खासा विशेशतायेंत वा तत्सम हातूंतल्यान पदव्युत्तर पदवी. (iii) आवश्यक पदव्युत्तर पदवी उपरांत व्याख्यातो म्हूण वा वैजकी महाविद्यालयांत /शिक्षणीक संस्थेंत समकक्ष शिक्षणीक पदाचेर संबंदीत विशेशतायेंत उण्यांत उणो तीन वर्सां शिकयल्ल्याचो अणभव आसूंक जाय. (iv) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

ऐच्छिक:- मराठीचें गिन्यान.

<u>बी. गोंय दांत महाविद्यालय आनी हॉस्पिटल</u>

व्याख्याते :

(i) ओरल वैजकी शास्त्र आनी विकिरण शास्त्री (Oral Medicine and Radiology) ........ 1 पद (अर्थीक नदरेन दुबळे आशिल्ल्यां खातीर आरक्षीत) (2 रे फावटी)

(ii) ओरल पॅथोलॉजी आनी मायक्रोबायलॉजी (Oral pathology and microbiology) ....1 पद (अनुसुचीत जाती खातीर आरक्षीत) (2 रे फावटी)

**वेतन श्रेणी:** रू.15,600-39,100+ 5,400/- (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 10 प्रमाणें) **पिराय-** 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-

**आवश्यक-** (i) दांत चिकित्सा कायदो 1948 चे (1948 चो 16 ) वळेरींतल्या भाग I आनी भाग II हातूंत आसपावीत केल्ली पात्रताय. (ii) डॅण्टिस्ट्रींत पदव्युत्तर पदवीची पात्रताय म्हणल्यार मान्यताय प्राप्त संस्था वा तत्सम हातूंतल्यान संबंदीत विशेशतायेंत दांत शल्यचिकित्सेंत मास्टर. (iii) दांत मंडळा कडेन नोंदणीकृत आसूंक जाय. (iv) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक:–** (i) पदव्युत्तर पदवी उपरांत मान्यताय प्राप्त संस्थेंत एक वर्स शिकोवपाचो अणभव. (ii) मान्यताय प्राप्त दांत महाविद्यालय / वैजकी महाविद्यालय जंय दांत विभाग / दांत संस्था आसा, हातूंत निबंधक / ट्युटर / वरिश्ठ निवासी / निदर्शक म्हूण डॅण्टिस्ट्रीच्या संबंदीत विशेशतायेंत तीन वर्सांचो अणभव. (iii) मराठीचें गिन्यान.